**Aakashvani Panaji**
**Regional news**

**26th October 2025** **7.20 pm**

Mhaje ghar , ganesh - 130

कोमुनिदाद जमनीतली घरां कायदेशीर करपा खातीर कोमुनिदादींनी सहकार्य करचें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.'म्हजें घर येवजणे'चे अर्ज वाटपाच्यो कार्यावळी आयज राज्याच्या तरेकवार वाठारात जाल्यो. ह्या सगल्या कार्यावळींक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर रावले. सांखळे उपरांत कुंभारजुव्यां मतदारसंघांतल्या पोरणें गोंय जाल्ले कार्यावळ जाली. ह्या वेळार आमदार राजेश फळदेसाय आनी पोरणें गोंय पंचायतीचे पंच हाजीर आशिल्ले.दरेकल्या कडेन स्वताच्या हक्काचें घर आसपाक जाय. हे खातीर 'म्हजें घर येवजणेची' कार्यवाय सुरू आसा. हे येवजणे खाला घराचें विभाजन जाले उपरांत अटल आसरो येवजणेचो लावूय घरां नांवार जाल्ल्या सगल्या भावांक मेळटलो. सरकारी, कोमुनिदाद वा खासगी सुवातेवेलें खंयचेच घर मोडचें न्हय, होच हेतू हे येवजणे फाटलो जावन आसा.कांय दिसां उपरांत सगल्या पंचायतींनी अर्ज दिवन, ते भरून घेवपाक शिबिरां आयोजीत करतले. ह्या शिबिरांनी अर्ज भरपा वांगडा कागदपत्रां विशीं गरजेचें मार्गदर्शन करतले, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

**Durgaprasad pai , Pruthvi naik book - 261**

थोडें बोल्ड थोडें ओल्ड काव्य संग्रहाच्यो लेखिका पृथ्वी नायक हांच्या कविता सामाजिक बांधिलकी आशिल्ल्यो आसात. अशा लेखकाची समाजाक आयज गरज आसा अशें मत साहित्यीक हेमा नायक हांणी उक्तायलें. आयच्या पिळगेक जें बोल्डनॅस आनी धाडस मेळ्ळां तें पयलीच्या पिळगेक मेळूंक नाशिल्लें अशें हेमा नायक हांणी सांगलें . पृथ्वी नायक हांच्यो कविता खूब परिपक्व आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें. सरकारी कला विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय खांडोळा तशेंच सहीत प्रकाशनावतीन आयोजित केल्ल्या थोडें बोल्ड थोडें ओल्ड काव्य संग्रहाच्या प्रकाशन सुवाळ्यांत त्यो उलयताल्यो. शिक्षण संचालनालयाचे संचालक भुषण सावयकर आनी हेमा नायक हांचे वतीन ह्या पुस्तकाचें प्रकाशन जालें. सहित प्रकाशना वतीन प्रकाशीत जाल्ल्या ह्या पुस्तकाक गोवा कोंकणी अकादमीच्या 'पंयलो चंवर' येवजणेचें सहकार्य लाभलां.ह्या वेळार माचयेर गोवा कोंकणी अकादेमीचे उपाध्यक्ष रमेश घाडी तशेंच पुस्तकाचेर उलोवपी गोवा विद्यापीठाच्या मराठी विभागाची सहाय्यक प्राद्यापक डॉ पुर्वा वस्त आनी खांडोळें सरकारी महाविद्यालयाची प्राचार्य प्रा. डॉ पुर्णकला सामंत, लेखिका पृथ्वी नायक आनी लेखिकेचे पालक चंदा आनी चंद्रकात नायक उपस्थित आशिल्ले. पृथ्वी नायक हांच्यो कविता खूब दर्जेदार आनी प्रगल्भ आशिल्ल्याचें लेखक रमेश घाडी हांणी सांगलें. कोंकणी अकादमीची पयली चंवर येवजण गोंयातल्या गांवा-गांवांनीं युवा लेखकां मेरेन पावून ते वरवीं नव्या दमाचे लेखक तयार जावंक जाय अशें तांणी सांगलें. डॉ पुर्वा वस्त हांणी सांगलें, पृथ्वी नायक हयो समाजभान आशिल्ल्यो लेखिका आसा. त्यांच्या लिखाणांतल्यान स्पश्ट अभिव्यक्ती दिसता. डॉ पुर्वा हांणीं एकंदर थोडे बोल्ड थोडें ओल्ड काव्य संग्रहाचे सखोल आनी अभ्यासपूर्ण चित्रण ह्या वेळार केलें. थोडें बोल्ड

थोडें ओल्ड काव्य संग्रहाच्या चित्रकार समीर नायक हांणी काडिल्ल्या काडिल्ल्या मुखपृश्टाच्या चित्राचे अनावरण लेगीत ह्या वेळार मानेस्ता हस्तुकीं जालें. प्रा डॉ प्राचार्य पुर्णकला सामंत हांणीं येवकाराचें जाल्यार उप प्राचार्य डॉ डिलॅक्टा डिकॉस्टा हांणी उपकाराचें उलोवप केलें. स्नेहा नायक हांणी कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केलें.

**Subhash jan, jangan - 102**

२०२७ वर्साचे जनगणनेचे तयारे खातीर देशभरांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांनी पूर्व चांचणी करतले. ते प्रमाण गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारां खातीर पेडणेंतलो कोरगांव, आनी शारां खातीर मडगावांतल्या प्रभाग १६ ची निवड केल्या. ही पूर्व चांचणी १० ते ३० नोव्हेंबर मेरेन जातली. दोनूय जिल्ह्यांच्या जिल्होधिकाऱ्यांची मुखेल जनगणना अधिकारी म्हूण नेमणूक केल्या. ॲपावरवीं स्वताची म्हायती एकठांय करपाचो पर्याय १ ते ७ नोव्हेंबर मेरेन उपलब्ध आसतलो.पूर्व चांचणेंत जनगणने संबंदीत सगल्या आंगांचो आस्पाव जातलो. जनगणनेंतल्या प्रस्तावीत प्रस्नांचें मुल्यांकन, डेटा एकठांय करपाची पद्दत, प्रशिक्षणाची परिणामकारकता, रसद, छापणावळ प्रक्रिया, डेटा गुणवत्तेचें मुल्यांकन, संभाव्य समस्यांची वळख आदी हांचें मुल्यांकन करपा खातीर पूर्व चांचणी करतले. पयलेच खेपे डेटा एकठांय करपा खातीर मोबायल ॲप वापरतले.

**Mkb**

आकाशवाणीचेर मन की बात कार्यावळींत उलयताना प्रधानमंत्री हांणी सरदार वल्लभभाई पटेलाची जयंती 31 ऑक्टोबराक मनयतले.दर वर्सा गुजरातांतल्या एकतानगरांतल्या 'एकता पुतळ्या' लागसार ह्या निमतान खाशेले सुवाळे घडोवन हाडटात अशें मोदी हांणी सांगलें. सरदार पटेलाचो 150वो जल्मदीस हो पुराय देशा खातीर एक सामको खाशेलो प्रसंग अशें मोदी हांणी भर दिलो. सरदार पटेल हो आर्विल्ल्या काळांतलो एक व्हड नायक आनी ताच्या उंचल्या व्यक्तीमत्वांत जायते गूण आस्पावतात अशें तांणी सांगलें.

भारताच्या राष्ट्रगीत - वंदे मातरम ह्या विशयाचेरूय प्रधानमंत्री उलयले. शेंकड्यांनी वर्सां गुलामगिरीक लागून दुबळें जाल्ल्या भारतांत नवें जिवीत निर्माण करपाखातीर बंकिमचंद्र चॅटर्जी हाणें वंदे मातरम रचलें. वंदे मातरमाची भावना हजारांनी वर्सां पोरन्या भारताच्या अमर चैतन्याक जोडिल्ली आसा अशें मोदी हांणी सांगलें. Byte

**Subhash jan kala academy**

कला अकादमीची भांगरा उत्सवी कोंकणी नाटक सर्त फाल्यासावन फोंडा राजीव गांधी कला मंदिरात सुरू जातली. दर दीसा सात वरांचेर ह्या नाटकांक सुरवात जातली. फाल्यांचो शुभारंभी प्रयोग बांदोडेच्या महालक्ष्मी प्रासादीक नाटय समाज ह्या संस्थेच्या मुकेश थळी लिखीत ' जाळें. ' ह्या नाटकान जातलो. कोंकणी नाट्य सर्तीत ओंदू १८ नाटकां सादर जातली. सर्तीतले निमाणें नाटक १५ नोव्हेंबराक सादर जातलें.

**Mulgaon 70**

मुळगांव ग्रामसभेन घेतिल्ल्या वाठारांतल्या वेदांताच्या खणकामाच्या कार्यावळीं संबंदीं हुस्को उक्तायलो. थळाव्या संस्थांचो वा पंचायतीचो योग्य विचार करिनासतना ही कंपनी चलता.शेतजमनीची बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ली मागणी, खण भाडें शिमो, घरां, देवळां, वाठारांतल्यान शेतांची योग्य मर्यादा करप, शेतकारांक प्रलंबीत आशिल्ली भरपाय दिवप. गांवांत चलपी खणकामाच्या कार्यावळींचो पर्यावरणाचेर जावपी परिणामा विशीं हुस्को उक्तावपाक थंयचे रहिवासी खंबीरपणान उबे आसात.गांवांत खणकाम सुरू जाले उपरांत आपल्या उदरनिर्वाहाचेर जावपी परिणामाचो हुस्को सांगून गांवच्या लोकांनी ह्या प्रकल्पाक विरोध केला.

**Ponda 211**

बेकायदेशीर रेंव खणपा आड अंमलबजावणी विशीं समन्वय बसका 24 ऑक्टोबर 2025 दिसा फोंडा उपविभागांतल्या उपजिल्होधिकारी आनी उपविभागीय दंडाधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत जाली . रेंव बेकायदेशीर काडप, येरादारी आनी सांठो करपाचेर आळाबंदा हाडपा खातीर आंतर विभागीय समन्वय वाडोवपाचें आज्ञापत्र दिवपी गोंयांतल्या मानादीक उच्च न्यायालयाच्या मुंबयच्या निर्देशांक पाळो दिवन ही बसका जाली.हे बसकेंत संबंदीत सगळ्या खात्यांचें प्रतिनिधित्व करपी अधिकारी म्हळ्यार एसडीपीओ फोंडा , फोंडा आनी मार्डोल पुलीस स्टेशनां, दर्यादेग सुरक्षा पुलीस, फोंडा तालुक्याचे मामलेदार , खण आनी भूंयशास्त्र संचालनालय, बंदर खात्याचे कॅप्टन, येरादारी आनी उदका संसाधन खातें संचालनालय, फोंडा हाजीर आशिल्ले . चरचे वेळार नेमान समन्वयात्मक अचकीत तपासणी पयलींच जमनीचेर सुरू आसा आनी हालींच्या अंमलबजावणी मोहिमांनी गुन्यांव नोंद जाल्यात अशी म्हायती पुलीस आनी ममलतदार हांणी दिली.

**Sketing association** ऑफ गोवा वतीन बेतूळ हांगा **ONGC** हेली पेडाचेर आयज 8 वी राज्य स्त्रीय रोलीग **Sketing** सरत जाली. हातूतले खेळगडे 5 ते 15 डिसेंबर मज गती जावपी भारतीय रोलर **Sketing** महासंघाच्या 63 व्या स्पीड **Sketing** सरती खातीर वेचतले

दिवाळे सावन सुरू जाल्या बिगरमोसमी पावसाचो नेट सध्या वाडला. आयतारा दीसभर दमट हवामान आशिल्ले. आता मेरेन राज्यात 1 ऑक्टोबर उपरांत 2.61 इंच पावसाची नोंद जाल्या.